# परिशिश्ट – 4

## स्टॉक ब्रोकर, उप-ब्रोकर आनी क्लायंट हांचे *SEBI आनी स्टॉक ऍक्सचेंजान नेमून दिल्ल्या* प्रमाणें हक्क आनी बंधनां

1. ऍक्सचेंजीस/सिक्युरिटीस ऍन्ड ऍक्सचेंज बोर्ड ऑफ इंडिया (SEBI)च्या नियम, पोटनियम आनी कायद्यात स्पश्ट केल्ले प्रमाणें आनी ताणी वेळच्या वेळार जारी केल्ल्या सर्क्युलरां/सुचोवण्यां प्रमाणें विनिमय करपा खातीर मान्यताय दिल्ल्याच सिक्युरिटीस/करार/हेर साधनांनीच क्लायंटांनी गुंतवणूक/वेपार करचो पडटलो.

2. ऍक्सचेंजच्या नियम, पोटनियम आनी कायद्याक आनी ताणी वेळच्या वेळार जारी केल्ल्या सर्क्युलरां/सुचोवण्यांक आनी SEBI च्या नियम आनी कायद्याक आनी पदार आशिल्ल्या अंमलबजावणी करपी सरकारी अधिका-यांनी वेळच्या वेळार जाहीर केल्ल्या अधिसुचोवण्यांक स्टॉक ब्रोकर, उप-ब्रोकर आनी क्लायंटान पाळो दिवचो पडटलो.

3. क्लायंट सिक्युरिटीस आनी/वा व्युत्पन्न करारांचो वेव्हार करपाच्या स्टॉक ब्रोकराच्या क्षमतेचेर समाधानी आसचो आनी स्टॉक ब्रोकरा मार्फत तांच्या मागणेची अंमलबजावणी करपाक इत्सुक आसचो पडटलो आनी क्लायंटान स्टॉक ब्रोकरा वरवीं अंमलबजावणी करच्या आदीं वेळा वेळार स्टॉक ब्रोकराच्या तशा क्षमताये बद्दल समाधान करून घेवचें पडटलें.

4. स्टॉक ब्रोकरान सातत्यान क्लायंटाच्या विश्वसनीयते बद्दल आनी अर्थीक संपन्नते बद्दल आनी उपलब्ध करच्या आशिल्ल्या सेवेच्या समर्पक गुंतवणूक उद्दिश्टां बद्दल स्वताचें समाधान करून घेवचें पडटलें.

5. स्टॉक ब्रोकराच्या करपा आशिल्ल्या वेवसाया खातीरच्या लागणूकीचें हातूंत स्टॉक ब्रोकर कृती करता ती लागणूक आनी क्षमता, कसल्योय मर्यादा हांचो समावेश आसता, ताचे तंतोतंत स्वरूप क्लायंटाक कळचें देखून, स्टॉक ब्रोकरान पांवलां उबारचीं पडटलीं.

6. उप-ब्रोकरान गरजेचें आशिल्लें सहकार्य उपलब्ध करचें पडटलें आनी क्लायंट (क्लायंटांच्या) वांगडा ताच्या सगळया वेव्हारांत स्टॉक ब्रोकरा वांगडा सहकार्य करचें पडटलें.

### क्लायंटाची म्हायती

7. क्लायंटान वेळा वेळार स्टॉक ब्रोकराच्या गरजे प्रमाणें लागपी तपशील पुरायेन "खातें उगडपाच्या फॉर्मांत" तेंक्याच्या तपशीला सयत भरप, ऍक्सचेंज/SEBI न सक्तीचें केलां.

8. खातें उगडपाच्या दस्तावेजांनी सगळया सक्तीच्या गरजांची म्हायती क्लायंटान स्वता करून घेवची पडटली. क्लायंटान स्विकार केल्ल्या अटी आनी शर्तीं प्रमाणें, स्टॉक ब्रोकरान उल्लेख केल्लीं अतिरिक्त पोटवाक्या वा दस्तावेज सक्तीचे आसचे नात.

9. क्लायंटान खातें उगडपाच्या वेळार आनी ते उपरांत उपलब्ध केल्ल्या 'खातें उगडपाच्या फॉर्मांत' दिल्ल्या म्हायतींत किदेंय बदल जालो जाल्यार क्लायंटान तत्काळ स्टॉक ब्रोकराक बरोवन अधिसुचीत करचे पडटले; हातूंत अर्जीची समाप्ती/दिवाळखोर अर्जी वा ताका अर्थीक फटको बसपी खंयचोय खटलो हांचो समावेश आसता. क्लायंटान नियमीत पणान स्टॉक ब्रोकराक अर्थीक म्हायती उपलब्ध/अद्यावत करूंक जाय.

10. क्लायंटाच्या खातें उगडपाच्या फॉर्मांत दिल्लो सगळो तपशील वा क्लायंटा संबंदींची हेर कसलीय म्हायती स्टॉक ब्रोकरान गुपीत राखूंक जाय आनी खंयचोय कायदो/नियमना सामकार सादर करचे पडटा ते सोडल्यार संबंदीत म्हायती ताणी हेर खंयचोच व्यक्ती/अधिकारी हांचे कडेन उघड करूंक फावोना. क्लायंटा कडल्यान तशी अनुमती घेवन स्टॉक ब्रोकरान म्हायती खंयच्याय व्यक्तीकडेन उघड करूं येता.

### मार्जीन (फायदो)

11. क्लायंटान तो वेपार करता त्या भागात (भागानीं) SEBI न निर्देश दिल्ले प्रमाणें वा स्टॉक ब्रोकर वा ऍक्सचेंजान स्पश्ट केल्ल्या प्रमाणें आरंभीक फायदे, प्रतिबंधीत फायदे, विशेश फायदे वा हेर तत्सम फायदे फारीक करचे पडटले. स्टॉक ब्रोकर ताच्या एकमात्र आनी पुराय तारतम्यान अतिरिक्त फायदो (एक्सचेंज,

क्लीयरींग हावज/क्लीयरींग कॉर्पोरेशन वा SEBI क गरजे नासल्यार लेगीत) घेवंक शकता आनी दिल्ल्या वेळेंत क्लायंटान तो फारीक करप बंधनकारक आसता.

12. क्लायंटान फारीक केल्लो पगार ताका सगळयाच देयांतल्यान मुक्त करताच अशें ना हें क्लायंटाक समजता. सातत्यान सुरळीत रितीन फायदो फारीक करून लेगीत ताच्या वेपाराच्या समेटा वेळार, क्लायंटाक, करारांत नमूद/स्पश्ट केल्ले प्रमाणें आनीक रक्कम भरची पडूं येता.

**उलाढाल आनी समेट**

13. क्लायंट सिक्युरिटी/व्युत्पन्न कराराची खरेदी वा विक्री खातीर लेखी वा तशा पद्दतीन वा स्वरूपांत, क्लायंट आनी स्टॉक ब्रोकरामदीं जाल्ल्या परस्पर सहमतीचेर आदारीत, कसलोय आदेश दिवंक शकता. स्टॉक ब्रोकरान, क्लायंटाक नेमून दिल्ल्या फकत एकमेव क्लायंट परिभाशेतूच आदेशाचे पालन आनी क्लायंटाच्या वेपाराची अंमलबजावणी करपाक जाय.

14. स्टॉक ब्रोकरान क्लायंटाक वेपार/समेटांची चक्रां (सॅटलमँट सायकल), धाडप/पगार नियोजन, वेळार वेळार जावपी खंयचेय बदल हांची म्हायती दिवची पडटली आनी जंय वेपाराची अंमलबजावणी जाता थंयच्या स्टॉक एक्सचेंजीच्या तशा नियोजनां/कार्यपध्दतीक पाळो दिवप ही क्लायंटाची जापसालदारकी आसता.

15. क्लायंटान दवरिल्ली अनामत रक्कम/सिक्युरिटी वेगळया खात्यांत, ताच्या/तिच्या स्वताच्या खात्या परस वा हेर कोणाय क्लायंटाच्या खात्या परस खेरीत दवरता आनी स्टॉक ब्रोकर, SEBI च्या मार्गदर्शक तत्वां, कायदे, नेम, सर्क्युलरां, सुचोवण्यो आनी/वा ऍक्सचेंजीच्यो सुचोवण्यो आनी सर्क्युलर, नेम, कायदे, पोट-नियम सोडल्यार ताच्या/स्वता खातीर वा हेर खंयच्याय क्लायंटा खातीर वा हेर कसल्याय उद्देशा खातीर वापरना म्हणपाची खात्री स्टॉक ब्रोकरान दिवंक जाय.

16. ऍक्सचेंज (ऍक्सचेंजी) जेन्ना वेपार रद्द करतात तेन्ना क्लायंटाच्या वतीन जाल्लो/जाल्ले तसले सगळे वेपार थंयच्या थंयच रद्द थारतात, स्टॉक ब्रोकर क्लायंट (क्लायंटां) वांगडचे संबंदीत करार रद्द करपाक मेकळो आसता.

17. ऍक्सचेंजीन अंमलांत हाडिल्ल्या उलाढालींक वेपाराची अंमलबजावणी जाल्ल्या सुवातेवयल्या ऍक्सचेंजी खाला जारी केल्ले नियम, पोट-नियम आनी कायदे आनी सर्क्युलरां/सुचोवण्यो लागू जातात आनी ऍक्सचेंजीच्या पोटनियम आनी कायद्यांत उल्लेख केल्ले प्रमाणें ऍक्सचेंजीचे नियम, पोटनियम आनी कायदे आनी तांच्या खाला जारी केल्ल्यो सुचोवण्यो/सर्क्युलरां परिणामकारक जावपा खातीर संबंदींत न्यायालयाच्या न्यायाधिकारक्षेत्रांत वेपार करपी सगळया पक्षांनीं तांकां पाळो दिवंक जाय आनी संबंदीत सगळया म्हायतीची पुरवण करूंक जाय.

**ब्रोकरेज (दलाली कर)**

18. क्लायंटान स्टॉक ब्रोकराक त्या वेळार लागू आसपी आनी क्लायंटाच्या खात्याक, उलाढालीक आनी स्टॉक ब्रोकर क्लायंटाक दिता त्या सेवेक लागू जाता ते प्रमाणें दलाली आनी कायदेशीर कर फारीक करचो पडटलो. स्टॉक ब्रोकर ऍक्सचेंजीन स्पश्ट केल्ल्या नियम, पोट-नियम, कायदे आनी/वा SEBI च्या नियम आनी कायद्या परस चड दलाली कर घेवंक शकना.

**रद्द करप आनी अधिकार काडून घेवप**

19. स्टॉक ब्रोकराच्या हेर हक्कांकडेन पक्षपात करिनास्तना (लवादाकडेन प्रकरण व्हरपाच्या हक्का सयत), मार्जीनां (फायदे) वा हेर रक्कम, फारीक करूंक नाशिल्लीं रीणां इत्यादींची फारीकसाण केली ना जाल्यार स्टॉक ब्रोकर क्लायंटाचे कांय वा सगळे अधिकार रद्द करतलो/काडून उडयतलो आनी अशा अधिकार रद्द करपाच्या/काडून उडोवपाचो खर्च क्लायंटाच्या जापसालदारकी/लागणुकीतल्यान जुळोवन घेतलो हें क्लायंटाक समजता. अधिकार रद्द केल्ल्यान/काडून घेतिल्ल्यान जाल्ल्या कसल्याय आनी सगळया लुकसाणीची भरपाय क्लायंटा कडल्यान करून घेतले आनी ताका ती सोंसची पडटली.

20. क्लायंटाचो मृत्यु वा दिवाळखोर जालो जाल्यार वा तो/ती घेवपाक आनी फारीक करपाक शकलो ना जाल्यार वा क्लायंटान खरेदी वा विक्री करपाचो आदेश दिल्ल्यो सिक्युरिटी धाडपाक वा स्थलांतरण करूंक असमर्थ आसा जाल्यार, स्टॉक ब्रोकर क्लायंटाची उलाढाल (वेव्हार) बंद करूंक शकता आनी किदेंय आसा

जाल्यार, क्लायंटाच्या मालमत्ते आड लुकसाणीचो दावो करूंक शकता. क्लायंट वा ताची नॉमिनी, वारसदार, उत्तराधिकारी आनी मुखत्यार खंयचींय शिल्लकीचे हकदार आसतले. नॉमिनीचो अधिकार आसपी निधी/सिक्युरिटीचें कायदेशीर वारसदाराक स्थलांतरण स्टॉक ब्रोकर वैध पध्दतीन करतलो.

21. पगार/डिलिवरी आनी तत्सम वेळार फारीक करपाक घाळपण जाल्ल्याची म्हायती स्टॉक ब्रोकर थंयच्या एक्सचेंजीच्या निर्देशनाक हाडटलो. जर घाळपण करपी क्लायंट एक संयुक्त संस्था/भागीदार/खाजगी आस्थापन वा हेर खंयचेंय कृत्रीम कायदेशीर आस्थापन आसा जाल्यार, मागीर संचालक/पुरस्कृत करपी/भागीदार/खाजगी धनी जे कोण आसा तांचें नांव, प्रस्तुत ऍक्सचेंजी कडेन म्हायती दिवप सुध्दां स्टॉक ब्रोकरान दिंवंक फावो.

### किजील सोडोवप

22. स्टॉक ब्रोकर संबंदीत ऍक्सचेंज आनी SEBI च्या संपर्काचो तपशील क्लायंटाक दितलो.

23. स्टॉक ब्रोकर ताच्या वतीन हाताळपी सदळया उलाढाली संबंदीत क्लायंटाच्यो कागाळी सोडोवंक आनी शॅरांची अयोग्य डिलिवरी, वायट डिलिवरीची दुरुस्ती इत्यादी संबंदातली हरकत काडूंक सहकार्य दितलो.

24. ठेवी, फायद्याची रक्कम इ., संबंदांतले कसलेय दावे आनी/वा किजील सोडोवंक क्लायंट आनी स्टॉक ब्रोकर, जंय वेपार जाला थंयच्या ऍक्सचेंजीचे नियम, पोटनियम आनी कायद्या प्रमाणें आनी ताच्या खाला वेळा वेळार जारी केल्ल्या सर्क्युलर/सुचोवण्यां प्रमाणें, लवादाकडेन गा-हाणें मांडूक शकतलो.

25. स्टॉक ब्रोकर आनी ताच्या क्लायंटा मजगतीं जाल्ल्या खंयच्याय उलाढालीक लागून उत्पन्न जाल्ल्या लवादी खटल्याच्या जलद समेट करपा खातीर स्टॉक ब्रोकर यत्न करतलो आनी तशा खटल्याच्या सुनावणेंत लवादी निकालाची अंमलबजावणी करूंक तो जापसालदार आसतलो.

26. क्लायंट/स्टॉक ब्रोकराचें किजील सुटावें करूंक अधिकृत प्रतिनिधीन क्लायंट/स्टॉक-ब्रोकराक संबंदीत जारी केल्ल्यो सुचोवण्यो किदेंय आसा जाल्यार, क्लायंट/स्टॉक ब्रोकराच्या वतीन तशें प्रतिनिधीत्व करपाच्या अधिकृत पत्रा च्या अनुशंगान बंधनकारक आसतल्यो.

### संबंद तोडप

27. खंयच्याय कारणांक लागून स्टॉक ब्रोकर स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या वांगड्याकडेन संबंद तोडटा - हातूंत स्टॉक ब्रोकराच्या घाळपणाक लागून वांगडीपद सोंपोवप, राजीनामो दिवप वा काडून उडवप हांचो समावेश आसता- वा जर बोर्डान प्रमाणपत्र रद्द केल्यार स्टॉक ब्रोकर आनी क्लायंटा मजगतीचे संबंद सोंपोवंक येतात.

28. स्टॉक ब्रोकर, उप-ब्रोकर आनी क्लायंट हेर पक्षांक एका म्हयन्यापरस आदीं लेखी सुचोवणी दिवंन कसलेंच कारण स्पश्ट करिनास्तना तांच्या मदलें नातें सोंपोवंक शकता. तथापि अशा समाप्तीक लागून, पक्षाच्या उलाढालीक लागून वा ताच्या अनुशंगान आयिल्ले सगळे हक्क, लागणूको आनी जापसालदारक्यो संबंधीत पक्षांक वा ताच्या/तिच्या वारसदार, अंमलबजावणी करप्याक, प्रशासकाक, कायदेशीर प्रतिनिधीक वा वारसदाराक, जो कोण आसा ताका पाळचे पडटले आनी लागू जातले.

29. उप-ब्रोकराक मरण आयल्यार/तो दिवाळखोर जाल्यार बोर्डाकडेन ताची/तांची नोंदणी रद्द जाल्यार वा/स्टॉक ऍक्सचेंजीन उप-ब्रोकराची मान्यताय फाटीं घेतल्यार आनी/वा स्टॉक ब्रोकरान खंयच्याय कारणाक लागून उप ब्रोकरा वांगडचो करार रद्द केल्यार, क्लायंटाक तशा रद्दीकरणाची म्हायती दितले आनी क्लायंट स्टॉक ब्रोकराचो थेट क्लायंट म्हूण समजतले आनी क्लायंट एका म्हयन्या परस आदीं लेखी बरोवन संबंद तोडपाची सुचोवणी दिना मेरेन स्टॉक ब्रोकर, उप-ब्रोकर आनी क्लायंटाचेर शेक आसपी 'हक्क आनी जापसालदारक्यो' दस्तावेजांत समाविश्ट केल्लीं सगळीं पोटकलमां आसा तशींच लागू जातलीं.

### अतिरिक्त हक्क आनी जापसालदारक्यो

30. स्टॉक ब्रोकराच्या वतीन जावपी उलाढालीच्या अनुशंगान क्लायंटाचो फायद्याच्या हिश्शाचो अधिकार, हक्क वा बोनस शॅर, इ. संबंदांन क्लायंटाक संरक्षण दिवपाची हमी ताणें दिवची पडटली आनी जाच्या वांगडा आनी जाचे खातीर ताणी सिक्युरिटींत उलाढाल केल्या त्या क्लायंटाच्या हिताआड कांयच करचे नात हाचीय हमी दिवची पडटली.

31. स्टॉक ब्रोकर आनी क्लायंट SEBI न आनी वेपार जाला थंयच्या संबंदीत एक्सचेंजीन केल्ले नियम, कायदे आनी पोटनियम, सर्क्युलरां, सुचोवण्यो आनी मार्गदर्शक तत्वां प्रमाणें वेळच्या वेळार तांची खातीं एकठांय करूंक आनी समेट करूंक शकतले.

32. स्टॉक ब्रोकर आपल्या घटकांक ऍक्सचेंजीन वेळा वेळार स्पश्ट केल्ल्या स्वरूपा प्रमाणें करार नोंद जारी करतलो हातूंत आदेश क्रमांक, वेपाराचो क्रमांक, वेपाराचो वेळ, वेपाराचो शुल्क, वेपाराचें प्रमाण, व्युत्पन्न कराराचो तपशील, क्लायंटाचो कोड, दलाली, लागू जावपी सगळे कर आनी ऍक्सचेंजीन तितल्या वेळेंत स्पश्ट केल्ली भरप सक्तीची आशिल्ली म्हायती सयत हेर तत्सम सगळो तपशील इत्यादी सयत उलाढालीच्यो सगळयो नोंदी जारी करतलो. डिजीटल स्वाक्षरी वापरून इलॅक्ट्रोनीक स्वरूपांत आनी/वा हार्ड प्रतींत एका कामाच्या दिसाभितर स्टॉक ब्रोकरान करार नोंदी गुंतवणूकदाराक दिवच्यो पडटल्यो.

33. स्टॉक ब्रोकर निधीतल्यान वा सिक्युरिटीच्या डिलीवरीतल्यान, जें किदें आसा ते प्रमाणें, क्लायंटाक कामाच्या एका दीसा वेपार जाल्ल्या संबंदीत ऍक्सचेंजीतल्यान मेळिल्ल्या मोबदल्या प्रमाणें, क्लायंटान उल्लेख करूंक ना तोमेरेन वेळच्या वेळार जंय वेपाराची अंमलबजावणी जाल्ली आसता थंयच्या संबंदीत ऍक्सचेंजीन उल्लेख केल्ले प्रमाणें मोबदलो फारीक करतलो.

34. वेपाराची उलाढाला जाल्ल्या प्रस्तुत ऍक्सचेंजीन स्पश्ट केल्ले प्रमाणें, नेमान आनी तितल्या वेळेत, वेळच्या वेळार, स्टॉक ब्रोकर ताच्या दरेक क्लायंटाच्या संबंदीत दोनूय निधी आनी सिक्युरिटी खातीर 'खात्याचें निवेदन' धाडटलो. क्लायंटान, जंय वेपाराची देवाणघेवाण जाता त्या ऍक्सचेंजीन स्पश्ट केल्ले प्रमाणें, वेळा वेळार निवेदनात अहवालाच्यो चुको, किदेंय आसल्यार त्यो दिवं येतात अशें लेगीत निवेदनात स्पश्ट करचें पडटलें.

35. स्टॉक ब्रोकरान क्लायंटाक दिसपट्ट्या फायद्याचें निवेदन धाडचें पडटलें. दिसपट्ट्या फायद्याच्या निवेदनात ठेव दवरिल्ल्या सिक्युरिटीचो तपशील, वापरिल्ली सिक्युरिटी आनी नकद, थीर ठेवेच्यो पावत्यो (FDR), बँकेची हमी आनी सिक्युरिटी हांच्या सयत सिक्युरिटीची स्थिती (उपलब्ध शिल्लक/क्लायंटा कडल्यान देय) हांचो समावेश आसतलो.

36. क्लायंटान आपल्याक स्टॉक ब्रोकरा कडेन संबंद जोडपा खातीर ताचे कडेन आवश्यक कायदेशीर क्षमताय आसा आनी तसो अधिकार आसा आनी ताच्या लागणूकेक पाळो दिवंक तो समर्थ आसा हाची खात्री दिवची पडटली. सगळया उलाढालींक पाळो दिवंक आवश्यक सगळे वेव्हार उलाढाल नोंद जावच्या आदीं क्लायंटान नमूद करचे पडटले.

**इलॅक्ट्रोनीक करार नोंदी (ECN)**

37. क्लायंटान इलॅक्ट्रोनीक पद्दतीन करार नोंद मेळोवप वेंचलें जाल्यार, ताणें योग्य ई-मेल आयडी स्टॉक ब्रोकराक दिवचो पडटलो. ई-मेल आयडीत जाल्लो कसलोय बदल लेखी पत्रा वरवीं क्लायंटान स्टॉक ब्रोकराक कळोवचो पडटलो. क्लायंटान माजाळया वरवीं वेपार करप वेंचलें जाल्यार, क्लायंटान उल्लेख केल्ल्या उपेगकर्त्याच्या आयडी आनी पासवर्ड वरवीं ईमेल आयडीच्या बदलाची मागणी करूंक शकतात.

38. ई-मेल आयडी वरवीं धाडिल्ले सगळे ECN चेर डिजीटल स्वाक्षरी केल्या, एनक्रिप्ट केल्यात, आनी IT कायदो, 2000 त केल्ल्या तरतुदीक ती पाळो दिता हाची खात्री स्टॉक ब्रोकर करची पडटली. ECN जोडणेंवरवीं ईमेल करून धाडिल्ली आसल्यार, जोडिल्ल्या फायलीचेर लेगीत डिजीटल स्वाक्षरी आसची पडटली, ती एनक्रिप्ट केल्ली आसची पडटली आनी ती किद्यानूच हस्तक्षेप करपी नासची पडटली.

39. स्टॉक ब्रोकराक मेल बाऊन्स जाल्ल्याच्या अधिसुचोवणेची पावती मेळना जाल्यार करार नोंद क्लायंटाच्या ई-मेल आयडीचेर धाडली अशें गृहीत धरतले हाची नोंद क्लायंटान घेवची.

40. ऍक्सचेंजीन IT कायदो, 2000 त तरतूद केल्ल्या प्रमाणें आनी SEBI/स्टॉक ऍक्सचेंजीन वेळच्या वेळार जारी केल्ल्या नियम/कायदे/सर्क्युलर/मार्गदर्शक तत्वांत उल्लेख केल्ले पद्दतीन, स्टॉक ब्रोकरान ECN हाताळूंक जाय आनी सॉफ्ट आनी हस्तक्षेप न करपी स्वरूपांत ई-मेलाची पावती दिवंक जाय. डिलीवरीचो पुरावो देखीक SEBI/स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या कायद्या खाला उल्लेख केल्ले प्रमाणें करार नोंदी धाडच्या वेळार प्रणालीन निर्माण केल्लो लॉग अहवाल स्टॉक ब्रोकरान विशिश्ट कालावधी खातीर राखून दवरचो पडटलो. लॉग अहवालात क्लायंटाक पावूंक नाशिल्ल्या करार नोंदींचो तपशील/न्हयकारिल्लो ई-मेल वा परत

बाऊन्स जाल्ल्याचो तपशील लॉग अहवालात दिवपाक फावो. SEBI/स्टॉक ऍक्सचेंजीन घालून दिल्ल्या प्रमाणें स्टॉक ब्रोकरान सदांच बाऊन्स जाल्ल्या मेलींची पावती दवरपाक सगळीं संभाव्य पांवलां उबारूंक फावो.

41. इलॅक्ट्रीक पद्दतीन करार नोंदी मेळोवप वेंचूक नाशिल्ल्या क्लायंटां खातीर स्टॉक ब्रोकर प्राकृतीक मोडांत करार नोंदी धाडप चालू दवरतलो. ECN क्लायंटाक मेळूंक पावल्यो नात वा क्लायंटाच्या ई-मेल आयडीन न्हयकारल्यो (मेल बाऊन्स जावप) जाल्यार, SEBI/स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या कायद्या खाला उल्लेख केल्ले प्रमाणें, विशिश्ट वेळे भितर स्टॉक ब्रोकर क्लायंटाक प्राकृतीक करार नोंद धाडटलो आनी तशा प्राकृतीक करार नोंदीच्या डिलिवरीचो पुरावो सांबाळून दवरतलो.

42. क्लायंटा वांगडच्या ECN च्या आदानप्रदानाच्या शिवाय, स्टॉक ब्रोकर ताच्या वॅबसायटीचेर, जर आसा जाल्यार, सुरक्षीत तरेन ECN प्रकाशीत करतलो आनी क्लायंटाक समर्पक ऍक्सॅस मेळोवंन दितलो आनी ह्या उद्देशा खातीर, क्लायंटाक एक एकमेव उपेगकर्त्याचें नांव आनी पासवर्ड उपलब्ध करून दितलो जाचे वरवीं क्लायंटाक करार नोंद इलॅक्ट्रोनीक पद्दतीन सांबाळपाचो आनी/वा मुद्रण प्रत काडपाचो पर्याय आसतलो.

**कायदो आनी न्यायाधिकारक्षेत्र**

43. ह्या दस्तावेजांत मांडिल्ल्या विशिश्ट हक्कां शिवाय, स्टॉक-ब्रोकर, उप-ब्रोकर आनी क्लायंटाक ऍक्सचेंजीच्या नियम, पोट-नियम आनी कायदो हांच्या खाला हेर अधिकार आसतले जे वरवीं क्लायंट ताच्या खालच्या सर्क्युलर/सुचोवण्यां वरवीं वा SEBIच्या नियम आनी कायद्या वरवीं वेपार वेंचतले.

44. ह्या दस्तावेजातल्यो तरतुदी सरकारी अधिसुचोवण्यो, SEBI वरवीं जारी जावपी खंयचेय नियम, कायदे, मार्गदर्शक तत्वां आनी सर्क्युलर/सुचोवण्यो आनी जंय वेपाराची अंमलबजावणी जाता त्या वेळच्या वेळार जावपी स्टॉक ऍक्सचेंजींच्या नियम, कायदे आनी पोट कायद्यांच्या, सदांच अधीन आसतले.

45. लवाद आनी तडजोड कायदो, 1996 खाला लवादांनी पास केल्ल्या खंयच्याय निवाड्याक स्टॉक ब्रोकर आनी क्लायंटान पाळो दिवचो पडटलो. पूण, लवादाच्या निवाड्याचेर खंयच्याय एका पक्षाचें समाधान जालें ना जाल्यार स्टॉक ऍक्सचेंजींत अपीलाची तरतूद सुध्दां केल्ली आसा.

46. ह्या दस्तावेजांत वापरिल्ले शब्द आनी स्पश्टीकरण पूण जाची हांगा व्याख्या केल्ली ना, संदर्भाक अन्यथा गरजेचो आसना तोमेरेन, ऍक्सचेंज/SEBI खाला नेमून दिल्ले नियम, पोटनियम आनी कायदे आनी ते खाला जारी केल्ले सर्क्युलर/सुचोवण्यांचो अर्थ तोच आसता.

47. स्टॉक ब्रोकरान संयोजन केल्लीं सगळीं अतिरिक्त स्वयं पोटवाक्यां/दस्तावेज ऍक्सचेंज/SEBI च्या नियम/कायदे/सुचोवण्यो/सर्क्युलराचें उल्लंघन करपी आसचीं न्हय. तशा स्वयं पोटवाक्यां/दस्तावेज (दस्तावेजांनी) केल्ले खंयचेय बदल जावच्या 15 दीस पयलीं सुचोवणी दिवपाची गरज आसा. ऍक्सचेंज/SEBI उल्लेख केल्ले हक्क आनी बंधनांनी केल्ले बदल क्लायंटाक कळोवचे पडटले.

48. SEBI च्या नियम आनी कायद्यानीं बदल जाल्ल्यान वा वेपाराची अंमलबजावणी जावपी प्रस्तुत स्टॉक ऍक्सचेंजीचे पोट-नियम, नियम आनी कायद्यान जाल्ल्या बदलांक लागून पक्षाच्या हक्क आनी बंधनांनी बदलाव आयलो जाल्यार, ते बदल ह्या दस्तावेजांत उल्लेख केल्ल्या पक्षांच्या हक्क आनी बंधनांनी दुरुस्ती करून तांचो अंतर्भाव करतले.

**स्टॉक ब्रोकरांनी क्लायंटा कडेन उपलब्ध केल्ल्या वेपाराच्या सुविधेचेर आदारीत माजाळें आनी वायरलॅस तंत्रज्ञान**
('हक्क आनी बंधनां' दस्तावेजांत उल्लेख केल्ले सगळे पोटनियम लागू जातले. तेभायर, हातूंत उल्लेख केल्ले पोटनियम लेगीत लागू जातले)

1. स्टॉक ब्रोकर, वायरलॅस तंत्रज्ञानाच्या वापरा वरवीं, जातूंत माजाळयाचो प्रोटोकॉल (IP) वापरतात अशा मोबायल फोन, डेटा कार्डा सयत लॅपटॉप, इत्यादी डिव्हायसांचो वापर जावं येता, माजाळयाचेर आदारीत वेपार (IBT) आनी सिक्युरिटी वेपार करपा खातीर पात्र आसा. वायरलॅस तंत्रज्ञान वापरून माजाळयाचेर आदारीत वेपार/सिक्युरिटी वेपारा खातीर SEBI आनी ऍक्सचेंजीन वेळा वेळार स्पश्ट केल्ल्या सगळया आवश्यक गरजांची पुरवण स्टॉक ब्रोकरान करची पडटली.

2. क्लायंट सिक्युरिटीनी गुंतवणूक करूंक/वेपार करूंक इत्सुक आसतात आनी ह्या उद्देशा खातीर, क्लायंट एकतर माजाळयाचेर आदारीत वेपार सुविधा वापरूंक वा वायरलॅस तंत्रज्ञानाच्या वापरा वरवीं सिक्युरिटी वेपाराची सुविधा वापरूंक इत्सुक आसतात. स्टॉक ब्रोकरांनी स्टॉक ब्रोकर IBT सेवा क्लायंटाक दिवची पडटली, आनी SEBI/ऍक्सचेंजीन केल्ल्या तरतुदी चेर आनी ताका लेखून क्लायंटान स्टॉक ब्रोकराच्या IBT सेवेचो उपयोग क्लायंटान करूंक जाय आनी ऍक्सचेंज/SEBI स्पश्ट केल्ल्या अटीं कडेन जुळपी स्टॉक ब्रोकराच्या IBT वॅब सायटीवयले नेम आनी शर्तीकडेन त्यो मेळटोजुळट्यो आसूंक जाय.

3. स्टॉक ब्रोकरान वायरलॅस तंत्रज्ञान/माजाळे/स्मार्ट ऑर्डर रुटींग वा हेर तंत्रज्ञाना वरवीं सिक्युरिटी वेपारा कडेन निगडीत खाशेलपणां, जोखीमी, लागणूको, बंधनां आनी जापसालदारक्यो हांची म्हायती स्टॉक ब्रोकर क्लायंटाक करून दितलो.

4. स्टॉक ब्रोकराची IBT प्रणाली स्वताच आरंभीक पासवर्ड आनी ताचें पासवर्ड धोरण निर्माण करता आनी तें ऍक्सचेंज/SEBI उल्लेख केल्ल्या अटींप्रमाणें आसता हाचें ज्ञान स्टॉक ब्रोकरान क्लायंटाक करून दिवंक जाय.

5. उपेगकर्त्याचें नांव आनी पासवर्ड गुपीत आनी सुरक्षीत राखपाची जापसालदारकी क्लायंटाची आसता आनी नोंद जावपी सगळया आदेशां खातीर आनी खंयच्याय व्यक्तीन स्टॉक ब्रोकराच्या IBT प्रणाली वरवीं क्लायंटाचो पासवर्ड आनी/वा उपेगकर्त्याचें नांव वापरून केल्ल्या खंयच्याय वेव्हारां खातीर, मागीर ताका तशें करपाचो अधिकार घडये आसचो ना, तो (क्लायंट) एकमात्र जापसालदार आसता. वायरलॅस तंत्रज्ञाना वरवीं ऑर्डर रुटेड प्रणाली वरवीं माजाळयाचो वेपार/सिक्युरिटी वेपार करपा खातीर प्रामाण्य तंत्रज्ञान आनी कडक सुरक्षा उपायांची गरज आसता हाचें ज्ञान लेगीत क्लायंटाक आसता आनी क्लायंटाचो वा ताच्या अधिकृत प्रतिनिधीचो पासवर्ड हेर तिसऱ्या पक्षाक - हातूंत कर्मचारी आनी स्टॉक ब्रोकराच्या डिलरांचो समावेश आसा - उघड जाल्लो ना हाची खात्री करून घेता.

6. क्लायंटान तो जर ताचो पासवर्ड विसरलो, स्टॉक ब्रोकरांच्या IBT प्रणालींत सुरक्षेक गळटी लागिल्ल्याचें ताका समजलें, हस्तक्षेपाचो दुबाव आयलो/सोद लागलो/ताच्या पासवर्ड/उपेगकर्त्याच्या नांव/खात्यावरवीं अनधिकृत ऍक्सॅस/हस्तक्षेप जाल्ल्याचें जाणवलें जाल्यार तशा अनधिकृत वापर, तारीख, पद्दत आनी तशा अनधिकृत वापराक लागून प्रभावीत जाल्ल्यो उलाढाली ह्या म्हायती सयत क्लायंटान स्टॉक ब्रोकराक तत्काळ अधिसुचीत करूंक जाय.

7. वायरलॅस तंत्रज्ञाना वरवीं माजाळें/सिक्युरिटी वेपाराचेर रुटीन ऑर्डरी खातीर घेवपाच्या सेवां वांगडा आसपी जोखीमीची जाण आनी पुराय ज्ञान क्लायंटाक आसा आनी क्लायटाच्या खंयच्याय प्रकारच्या उपेगकर्ता नांव/पासवर्डा खंयच्याय आनी सगळया कृती खातीर क्लायंट पुरायेन जापसालदार आनी जबाबदार आसतलो.

8. क्लायंटाच्या मागणेवयल्यान स्टॉक ब्रोकर ईमेल वरवीं ऑर्डरी/वेपार समर्थन धाडटलो. ऑर्डर/वेपार पुनर्तपासणी वॅब पोर्टलाचेर सुध्दां उपलब्ध आसता हाचें ज्ञान क्लायंटाक आसा. वायरलॅस तंत्रज्ञान वापरून क्लायंट वेपार करता जाल्यार, स्टॉक ब्रोकर क्लायंटाच्या डिव्हायसाचेर ऑर्डर/वेपार समर्थन धाडटलो.

9. माजाळयाचेर वेपार करपांत खुबशे अनिश्चीत घटक आसतात आनी कठीण हार्डवॅर, सॉफ्टवॅर, प्रणाल्यो, दळणवळण लायनी, पेरीफेरल इत्यादी मदीं इबाड आनी बिघाड जावंक शकता. स्टॉक ब्रोकर आनी ऍक्सचेंज क्लायंटाक स्टॉक ब्रोकराची IBT सेवा सुरळीत आनी सदांच उपलब्ध आसतली हाची हमी दिना वा ताचें प्रतिनिधीत्व करिना.

10. कसलेंय निलंबन, आडखळ, स्टॉक ब्रोकराच्या IBT प्रणाली वा सेवा वा ऍक्सचेंज सेवा वा प्रणालीचो दुरुपयोग वा अनुपलब्धताय वा क्लायंट/स्टॉक ब्रोकर/ऍक्सचेंजीचेर प्रणालीचें अपेस, स्टॉक ब्रोकर/ऍक्सचेंजीच्या नियंत्रणा भायर खंयच्याय कारणाक लागून खंयच्याय लिंक/प्रणालीच्या अपेसाक लागून ताच्या आदेशाची अंमलबजावणी जावप ना, अशा कारणांक लागून क्लायंटाक ऍक्सचेंज वा स्टॉक ब्रोकराआड खंयचोच दावो करूंक मेळचो ना.

# परिशिश्ट – 5

## पूंजी निवेशाचे जोखीम प्रगटीकरण दस्तावेज आनी साधित भाग

ह्या दस्तावेजात स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या इक्विटी/साधित भागांनीं जावपी वेपाराची म्हत्वाची म्हायती समाविश्ट आसा. सगळया फुडें आसपावीत जावपी घटकांनी इक्विटींत/ऍक्सचेंजीच्या साधित भागांनी वेपार करच्या पयलीं हो दस्तावेज वाचपाक जाय.

स्टॉक ऍक्सचेंज/SEBI एकोडी वा संयुक्त पणान आनी स्पश्टपणान वा सुचीत स्वरूपान हमी दिना वा ह्या प्रगटीकरण दस्तावेजाच्या अचुकताय, पूर्णतायेची वा योग्यतायेची हमी दिना वा ते संबंदान कसलेंच प्रतिनिधीत्व करिना तशेंच स्टॉक ऍक्सचेंज/SEBI वेपार भागांतल्या खंयच्याच सहभागी गुणांक पसंती दिना ह्या संक्षिप्त निवेदनात सगळयो जोखमी आनी वेपाराचे म्हत्वाचे स्वरूप उघड केल्लें ना.

समाविश्ट आशिल्ल्या जोखमीच्या अनुशंगान, तुमी प्रवेश करतात त्या संबंदाचें स्वरूप आनी जोखीम कितली आसा हें तुमी जाणून घेतिल्लें आसल्यारूच तुमी उलाढाल (वेव्हार) करूंक जाय.

इक्विटी शॅर, साधित करार वा स्टॉक ऍक्सचेंजाचेर जावपी हेर साधनां, जातूंत चडउतार जावपी जोखीम घटक आसतात, जे मर्यादीत साधनसामुग्री/मर्यादीत गुंतवणूकी आनी वा वेपार अणभव आनी कमी जोखीम सहनशक्ती आसपी कोणांकूय सामान्यपणान अनुरूप साधन आसना. ताका लागून तुमच्या अर्थीक परिस्थिती कडेन तसो वेपार योग्य आसा हाचो बारीकसाणेन विचार करूंक जाय. तुमी स्टॉक ऍक्सचेंजीत गुंतवणूक केली आनी दुष्परिणाम वा लुकसाणीक तोंड दिवचें पडलें जाल्यार, ताचे खातीर तुमी स्वता जापसालदार आसतले आनी स्टॉक ऍक्सचेंज/ताची क्लियरींग संघटणा आनी/वा SEBI ते खातीर, खंयच्याय परिस्थितींत जापसालदार आसची ना, आनी तुमकां हाचे आदीं जोखीमीच्या म्हायती विशीं कळीत केलें नाशिल्लें वा तुमकां संबंधीत स्टॉक ब्रोकरान जोखीमीविशीं सविस्तर विसकटावन सांगलें ना असो दावोय तुमी करूंक शकचे नात. फलनिष्पत्ती खातीर वांगडी पुरायेन जापसालदार आसतलो आनी त्या खात्याचो खंयचोच करार रद्द करूंक मेळचो ना. खरेदी खातीर ऑर्डरीची अंमलबजावणी करतना आनी/वा स्टॉक ऍक्सचेंजीत साधित कराराच्या विक्री खातीर फायद्याची हमी आसना वा लुकसाणीतल्यान पळवाटुय आसना हें तुमी मानून घेवंक जाय आनी ताचो स्विकार करूंक जाय.

तुमी स्टॉक ऍक्सचेंजीत स्टॉक ब्रोकरा वरवीं वेव्हार करतात जातूंत स्टॉक ब्रोकरान घालून दिल्ल्यो कांय औपचारीकता पुराय करच्यो पडटात, हातूंत तुमी तुमच्या क्लायंटाची वळख फॉर्म, किदें करचें वा किदें करचें न्हय इत्यादींचो समावेश आसता आनी स्टॉक ऍक्सचेंज, ताची क्लियरींग संघटणा, SEBIन वेळा वेळार स्पश्ट केल्ली आनी चालीक लायिल्लीं मार्गदर्शक तत्वां, नियम, पोटनियम आनी कायद्याच्या आनी स्टॉक ऍक्सचेंज वा तांच्यो क्लियरींग संघटणा हाणीं जारी केल्ल्या सर्क्युलराच्या तें अधीन आसता.

स्टॉक ऍक्सचेंज कसलोच सल्लो दिना वा उपलब्ध करिना आनी ह्या दस्तावेजाचेर आदारीत स्टॉक ऍक्सचेंज आनी/वा खंयच्याय तिस-या पक्षाच्या स्टॉक ब्रोकरा वांगडा खंयच्याय वेवसायीक नात्यांत प्रवेश करपी खंयच्याच व्यक्तीखातीर जापसालदार आसना. ह्या दस्तावेजांत समाविश्ट खंयचीय म्हायती वेवसायीक सल्लो म्हूण मानची न्हय. वेपारांतले संभाव्य धोके आनी जोखमी विचारांत घेतल्या बगर वेपाराचो विचार करचो न्हय. तुमची खात्री नासल्यार, तुमी ताचे विशीं वेवसायीक सल्लो घेवंक जाय.

वेपार करचो वा तुमच्या वतीन आनीक कोणांकूय वेपार करपाचो अधिकार दिवंक, तुमकां हाचें ज्ञान आसप वा मुखावयलें जाणां आसप गरजेचें आसा:-

### 1. मूळ जोखीम:

#### 1.1 उच्च अस्थिरतेची जोखीम:

स्टॉक ऍक्सचेंजींत गुंतवणूक करता तेन्ना सिक्युरिटी/साधित करार जाल्ल्या किमतींत अचकीत बदल जावप ताका अस्थिरता अशें म्हणटात. सामान्यपणान, सिक्युरिटी/साधित करारातली अस्थिरताय जितली व्हड आसता तितलोच ताच्या किंमतींत चडउतार जाता. क्रियाशील सिक्युरिटी/साधित करारांपरस, ल्हान (विरळ) वेपारीक सिक्युरिटी/साधित करारांनी चड अस्थिरता आसता. अस्थिरतेक लागून, तुमच्या आदेशाची अर्द अंमलबजावणी जाता वा अंमलबजावणी जायच ना, वा तुमच्या आदेशाचें पालन जाल्लें तेन्नाची किंमत निमाण्या वेपाराच्या किंमतीपरस वेगळी आसता वा सातत्यान बदलता, जाका लागून काल्पनीक वा वास्तवीक लुकसाण जाता.

#### 1.2 कमी रोकडसुलभतेची जोखीम:

गुंतवणूक दारांची चडाओढीच्या किंमतींत आनी किमान किंमतीच्या फरकांत सिक्युरिटी/साधित करारांची खरेदी आनी/वा विक्रीच्या क्षमतायेक रोकडसुलभता अशें म्हणटात. सामान्यपणान, बाजारांत चड ऑर्डरी उपलब्ध आसता

तशी रोकडसुलभता चड आसता अशें सर्वसादारणपणान मानतात. रोकडसुलभताय म्हत्वाची आसता कारण चड रोकडसुलभताये वांगडा, गुंतवणूकदारांक सिक्युरिटी/साधित करार चड जलदरितीन आनी किमान मोल फरकांत खरेदी करूंक आनी/वा विकूंक सोंपें जाता आनी हाचो परिणाम म्हूण, गुंतवणूकदार खरेदी केल्ल्या वा विकतें घेतिल्ल्या सिक्युरिटी/साधित करारांच्या स्पर्धात्मक मोला खातीर चड करून फारीक करतात वा पयशे घेतात. कांय सिक्युरिटीनीं/साधित करारांनीं घडये कमी रोकडसुलभतेची जोखीम आसूंक शकता. हाचो परिणाम म्हूण, तुमची ऑर्डर घडये फकत अर्दी अंमलांत हाडटले, वा घडये व्हडल्या मोल फरका सयत अंमलबजावणी जातली वा घडये अंमलबजावणी जावचीच ना.

**1.2.1** दिसपट्टो वेपारीक डावपेंच म्हूण सिक्युरिटी/साधित करार विकते घेवप वा विकप हातूंत लेगीत लुकसाण जावं येता, कारण तशा परिस्थितींत, अपेक्षीत मोलाच्या पातळे परस सिक्युरिटी/साधित करार कमी/चड किंमतींत घडये विकचे/खरेदी करचे पडूं येतात, ताका लागून सिक्युरिटी/साधित करार धाडूंक वा मेळोवंक खंयचीच प्रगट स्थिती वा बंधन आसचें न्हय.

**1.3 विस्तृत परसणेची जोखीम:**
उत्तम खरेदीची रक्कम आनी उत्तम विक्रीची रक्कम हांच्या मदल्या फरकाक पसरणी अशें म्हणटात. सिक्युरिटी/साधित कराराच्या खरेदीचें मोल आनी ताची तत्काळ विक्री वा उरफाटें हाच्या मदल्या फरकाचें तें प्रतिनिधीत्व करतात. कमी रोकडसुलभताय आनी उच्च अस्थिरतायेक लागून कमी रोकडीच्या वा रोकडविरयत सिक्युरिटी/साधित करारांचीं सामान्यापरस चड परसण जाता. हाका लागून मोल बरें येवपाक आडमेळीं येतात.

**1.4 जोखीम-उणी करपी ऑर्डरी:**
कांय प्रमाणांत लुकसाण जावपाचेर मर्यादा हाडपा खातीर दवरिल्ल्यो ऑर्डरी (देखीक., "लुकसाण थांबोवचें" ऑर्डर्स, वा "मर्यादा हाडची" ऑर्डर्स) जायते फावटी परिणामकारक आसतल्योच अशें ना कारण बाजारांत सातत्यान जावपी अस्थितरायेक लागून तशा ऑर्डरींची अंमलबजावणी करप अशक्य जाता.

**1.4.1** दुसऱ्या बाजून आशिल्ल्यो ऑर्डरी विचारांत घेवन ताचें आनी मोल विचारांत घेनाआस्तना, "बाजार" ऑर्डरीची तत्काळ अंमलबजावणी करची पडटा, जाल्यार गिरायकाक "बाजार" ऑर्डरीचेर तत्परतेन अंमलबजावणी मेळूंक शकता, उरिल्या ऑर्डरीची किंमत घडये चालीक लावं येता, मोल वेळेच्या आद्यताये चेर जी ऑर्डर प्रमाणाचें समाधान करता. हें मोल निमाणें वेपार केल्ल्या मोलापरस वा त्या सिक्युरिटी/साधित करारांतल्या बऱ्या किंमती परस सामकी वेगळी आसतली हें समजूं येता.

**1.4.2** ऑर्डरी खातीर वा उत्तम किंमती खातीर "मर्यादीत" ऑर्डरीची फकत "मर्यादीत" मोलांत अंमलबजावणी जातली. पूण, गिरायकाक मोलाची सुरक्षा मेळटा आस्तनाच, ऑर्डरीचेर अंमलबजावणी न जावपाची शक्यताय सुध्दां आसता.

**1.4.3** थांबची लुकसाण ऑर्डर स्टॉक/साधित कराराच्या चालंत किंमती कडल्यान सादारणपणान "पयस" दवरतात., आनी सिक्युरिटी/साधीत करार थांबपाच्या किंमती कडेन पावले जाल्यार वा तातूंतल्यान वेपार चालू जाता तेन्ना तसल्यो ऑर्डरी क्रियाशील जातात. विक्री थांबच्यो ऑर्डरी चड करून चालंत किंमती सकयल नोंद जातात, आनी खरेदी थांबच्यो ऑर्डरी चड करून चालंत किंमतीच्या वयर नोंद जातात. सिक्युरिटी/साधित करार पूर्व-निर्देशीत मोलाकडेन पावतकीच, वा तशा मोला वरवीं वेपार चलता तेन्ना, थांबची लुकसाण ऑर्डर बाजार/मर्यादीत ऑर्डरीत रुपांतरीत जाता आनी मर्यादेन वा उत्तमांत ताची अंमलबजावणी जाता. सिक्युरिटी/साधित करार पूर्व-निश्चीत किमतीत शिरकाव करूंक शकतात देखून मर्यादीत ऑर्डरीच्या अंमलबजावणेची खात्री आसना, हाका लागून फकत नियमीत मर्यादीत ऑर्डरी सयत तसल्या ऑर्डरींचीं अंमलबजावणी न जावपाची जोखीम आसता.

**1.5 नव्या जाहीरनाम्याची जोखीम:**
वेपारा वेळार उप्रासपी नव्या जाहीरनाम्याचो परिणाम घडये स्टॉक/साधित कराराचेर जावंक शकता, आनी कमी रोखडसुलभताय आनी उच्च अस्थिरताय हांच्या वांगडा एकठांय जाता तेन्ना, सिक्युरिटी/साधित कराराच्या मोलांत घडये अचकीत अनपेक्षीत सकारात्मक वा नकारात्मक परिणाम करूंक शकता.

**1.6 अफवेची जोखीम:**
तोंडान, खबरांपत्रां, वॅबसायटी वा खबरां एजन्सी इत्यादी वरवीं कंपन्यो/चलना बद्दल घडये अफवा पातळूंक शकता. गुंतवणूकदारांनी अफवेचेर विस्वास दवरिनास्तना पुराय शहानिशा करूंक ना.

**1.7 प्रणालीचे जोखीम:**
बाजार उगडटना आनी बाजार बंद जावच्या आदीं व्हडा प्रमाणांत वेपार खुबदां जाता. दिसाच्या खंयच्याय वेळार तसलो व्हड वेपार केन्नाय जावंक शकता. ऑर्डरीची अंमलबजावणी वा मंजुरींत घडये कळाव जावंक शकता.

**1.7.1** अस्थिरतायेच्या कालावधींत, बाजारांतले गुंतवणूकदार ताच्या ऑर्डरीच्या प्रमाणांत वा किंमतींत वा नवी ऑर्डर दवरतना सातत्यान बदल करतात देखून हेर अंमलबजावण्यो आनी तांच्या समर्थनाक कळाव जावं येता.

**1.7.2** कांय विशिश्ट बाजारांतल्या परिस्थितीखाला, माफक दरांत वा पुराय दरांत हिस्सो रोकडसुलभ करप कठीण वा अशक्य जावंक शकता, अशें विक्री वा खरेदीच्या अशे दोनूय बटेन शिल्लक ऑर्डरी उरनात वा जर बेकायदेशीर वेपाराक लागून वा हेर कसल्याय कारणाक लागून जर सिक्युरिटी/साधित कराराचो वेपार बंद उडयला आसता तेन्ना जावंक शकता

**1.8 प्रणाली/नॅटवर्क आडमेळे:**
ऍक्सचेंजीचेर जावपी वेपार इलॅक्ट्रोनीक मोडांत आसता, तो उपगिरो/लिजाच्या तार आदारीत दळणवळाचेर आदारीत आसता, हातूंत ऑर्डरी दवरपाक आनी ऑर्डरी निर्देशीत करपाक तंत्रज्ञानाची आनी संगणक प्रणालीचो एकठांय आदार घेतलो वता. ताका लागून, दळणवळणाक अपेस येवपाची वा प्रणालीची समस्या वा प्रणालीतल्यान प्रतिक्रिया दिवपाक कळाव जाता वा वेपार थांबता वा हेर कसलीय समस्या उप्रासता, वा नियंत्रणा भायली वेपाराची प्रणाली/नॅटवर्क समस्या उप्रासता जाका लागून खरेदी वा विक्री एक तर अर्द वा पुरायेन प्रक्रिया जावपाक कळाव लागूंक शकता. ह्यो समस्या तत्पुरत्यो आसल्यो तरीय, पूण जेन्ना तुमचे कडेन शिल्लक उकते शॅर आसतात तेन्ना वा अंमलबजावणी जावंक नाशिल्ल्यो ऑर्डरी आसतात तेन्ना, हे जोखीम दाखयता कारण सगळ्यो अंमलबजावणी केल्ल्यो उलाढाली सुटाव्यो करप तुमकां बंधनकारक आसता.

**2. साधित भाग विचारांत घेवया, उपकार करून मुखावयलीं अतिरिक्त खाशेलपणांची नोंद घेवचीं:-**

**2.1 "उंचावणी" वा "वयर वचप" चो परिणाम:**
साधित बाजारांत, साधित कराराच्या मोलापरस फायद्याचें प्रमाण कमी आसता ताका लागून उलाढाली "उंचावतात" वा "वयर वतात". साधित वेपारांत, जातूंत सामक्या कमी प्रमाणांत  फायदो समाविश्ट आसता, एकदम खूब फायदो वा लुकसाण जावपाची शक्यताय आसता. साधितांतल्या उलाढालींत खूब जोखीम आसता.

तुमी ताका लागून उपाधीत वास्तवीक वेपार करच्या आदीं मुखावयलीं निवेदनां पुरायेन समजून घेवपाक जाय आनी खातें निर्माण करतना, अर्थीक साधनसामुग्री इत्यादींनी सहभागी जातना जतनायेन पावलां उबारूंक जाय. मोल तुमच्या विरुध्द गेलें जाल्यार, थोड्याच वेळा भितर तुमी एक भाग वा पुराय फायद्याची रक्कम बुडोवंक शकतात. आनीक सांगपाचें जाल्यार, मूळ फायद्याच्या रक्कमेपरस लुकसाण चड जावं येता.

A. फुडाराच्या वेपारांत सगळ्या सुवातींचो दिसपट्टो समेट आसपावीत आसता. दर दीसा इंडेक्स/साधित कराराच्या बंद जावपाच्या पांवड्यार उकती सुवात चिन्नीत जाता. करार तुमच्या आड हालयत जाल्यार, त्या हालचालीक लागून तुमका लुकसाण जाल्ली रक्कम (कल्पीत) दिवची पडटा. दिल्ल्या वेळे भितर ही रक्कम फारीक करची पडटली, चड करून फुडल्या दिसाचो वेव्हार सुरू जावच्या आदी.

B. तुमी दिल्ल्या वेळे भितर अतिरिक्त रक्कम भरपाक शकले नात जाल्यार वा तुमच्या खात्यांत शिल्लक रीण आसा जाल्यार, स्टॉक ब्रोकर एक भाग वा पुराय भाग रोकडसुलभ करूंक शकता वा सिक्युरिटी बदलूंक शकता. अशा प्रकरणात, अशा बंद करपाक लागून जाल्ल्या कसल्याय हानीची भरपाई तुमी करची पडटा.

C. कांय विशिश्ट बाजाराच्या स्थितींत, गुंतवणूकदाराक उलाढाली कार्यान्वीत करप कठीण वता वा अशक्य जाता. देखीक, ही स्थिती अरोखडसुलभताये सारक्या घटकांक लागून उप्रासूं येता देखीक जेन्ना मोलाच्या मर्यादा वा सर्किट ब्रेकर्स इत्यादींक लागून फावोशे बीड्स आसनात वा प्रस्ताव आसनात वा वेपाराचें निलंबन जाता तेन्ना ही परिस्थिती उद्भवता.

D. बाजार स्थिरताय राखून दवरूंक, मुखावयले पांवडे उबारूं येतात: फायद्याच्या दरांत बदल नकद फायद्याच्या दरांत वा हेरांत वाड जाता. अस्तित्वांतल्या स्पश्ट कळंतरांक हे नवे उपाय लेगीत लागू करूं येतात. अशा परिस्थितींत, तुमी अतिरिक्त फायदे घालचे पडटात वा तुमची स्थिती देवोवची पडटा.

E. तुमी वेपार करपाचो थारायला त्या साधित कराराचो पुराय तपशील तुमकां दिवंक तुमी तुमच्या ब्रोकराक सांगूक शकतात देखीक, करार खाशेलपणां आनी संबंदीत लागणूको.

**2.2 चलन विशिश्ट जोखीम:**
1. विदेशी चलनाच्या करारांतल्या उलाढालींत फायदो वा लुकसाण, ते तुमच्या न्यायाधिकार क्षेत्रात वा हेर क्षेत्रांत वेपार करतात, तेन्ना एका चलनातल्यान दुसऱ्या चलनात रुपांतरण करपाचें आसता तेन्ना चलन दरानी चडउतार जाल्ल्यान परिणाम जातलो.

2. कांय विशिश्ट बाजाराच्या परिस्थिती खाला, स्थिती रोकडसुलभ करूंक तुमकां घडये कठीण वतले वा अशक्य जातलें. हें जावंक शकता, देखीक थीर वेपार बँड्स विस्तृत जाल्ले आसतात वा चलन अनियंत्रीत जाता.

3. चलनाचें मोल सामकें अस्थिर आसता. हेर गजालींनीं चलनाच्या मोलाचेर हाचो प्रभाव पडटा: पुरवण-मागणी नातें बदलता; वेपार, महसुल, पयशांविशींचे, ऍक्सचेंज नियंत्रण कार्यावळ आनी सरकारी धोरणां; विदेशातलें राजकारण आनी अर्थीक प्रसंग आनी धोरणां; राष्ट्रीय आनी आंतरराश्ट्रीय कळंतर दरांनी बदल आनी म्हारगाय; चलनाचें मोल देंवप; आनी बाजारातली भावना. खंयच्याय व्यक्तिगत सल्लागारा वरवीं हातूंतले खंयचेच घटक नियंत्रीत करूंक शकनात आनी सल्लागाराच्या सल्ल्याक लागून सहभागी गिरायकांच्या वेपारांत फायदो जातलो वा गिरायकांक लुकसाण जावचें ना हाचीय खात्री दिवंक मेळना.

**2.3 पर्याय धारकाची जोखीम:**
1. सामक्या कमी वेळेत खातें धारक पर्यायधारका खातीर फारीक केल्ली पुराय रक्कम वगडावपाची जोखीम आसता. ही जोखीम पर्यायाचें स्वरूप उजागर करता ताची मुजत सोंपल्या उपरांत किंमत उणीं जावंक शकता. एक पर्याय धारक जो दुय्यम बाजारांत ताचो पर्याय विकीना वा ताच्या सोंपणेंआदीं ताचो वापर करिना तो पर्यायांत ताची पुराय गुंतवणूक जाणूनबुजून वगडायतलो. निर्देशीत दिशेन सकयल दिल्ल्याची किंमत बदल्ली ना जाल्यार, पर्यायाचो भाव फेडपा खातीर गुंतवणूकदार ताची एकूण वा गुंतवणूकीचो एक भाग वगडावचो पडूं येता.

2. अदलाबदल घडये वापराचेर मर्यादा घालूंक शकता आनी विशिश्ट आवाठांत विशिश्ट वेळेंत पर्यायाच्या वापराचेर मर्यादा हाडूंक निव्वळ अधिकार आसता.

**2.4 पर्यायाच्या लेखकांच्यो जोखीमी:**
1. अधोरेखीताच्या मोलाची हालचाल अपेक्षीत दिकेन जालीना जाल्यार, पर्याय लेखक वास्तवीक रक्कम वगडावपाची जोखीम आसता.
2. पर्याय लेखकाची जोखीम समान अधोरेखीत कळंतराचेर समान पर्याय खरेदी करून करूं येता आनी पर्याय बाजारांत हेर स्थिती विस्तारीत करून वा हेर प्रकारच्या पर्यायाची स्थिती संपादन करून पर्याय लेखकाची जोखीम उणी करूं येता. पूण, लेखकान विस्ताराचें अनुमान केल्लें आसलें वा हेर  स्थिती अनुमानीत केली जाल्यार, जोखमी तरी म्हत्वाच्यो आसूं येतात. विस्तृत स्थिती 'लांब' वा 'मोटवी स्थिती परस कमी जोखमीची आसतलीच अशें ना.
3. अशी उलाढाल जातूंत एकठांय साबार पर्यायांची खरेदी आनी लिखाणाचो समावेश आसता, वा खरेदी आनी विक्रीच्या एकठांवणे सयत खरेदी वा लिखाण पर्याय अधोरेखीत कळंतर कमी करता, गुंतवणूकदाराक अतिरिक्त जोखीम उत्पन्न करता. एकठांय उलाढाली, जशो पर्याय विस्तारणी, एकोडो पर्याय खरेदी करप वा बरोवपा परस जटील आसता. आनी खंयच्याय गुंतवणूकीच्या भागांत जटीलताये बद्दल सारकें समजना, तोच एक जोखमीचो घटक आसता. एकठांवण्यो हिकमती विचारांत घेवच्यो न्हय हाची सुचोवणी करिनात पूण तशें सुचयतात, वेगवेगळ्या बाजाराच्या परिस्थितीची आनी जोखमीची पुरायेन जाण आसपी तज्ञ आनी ज्ञानी कोणाचो तरी सल्लो घेवंक शकतात.

**3. वायरलॅस तंत्रज्ञान/स्मार्ट ऑर्डर रुटींग वा हेर खंयच्याय तंत्रज्ञानां वरवीं वेपार:**

वायरलॅस तंत्रज्ञान/स्मार्टऑर्डर रुटींग वा हेर खंयच्याय तंत्रज्ञाना वरवीं जोखीम, जापसालदारको आनी लागणूको हांची व्याखा करपी खंयच्योय अतिरिक्त तरतुदी हांची म्हायती स्टॉक ब्रोकरान क्लायंटाक दिवंक जाय.

**4. सामान्य**

**4.1** 'घटक' म्हणल्यार आनी आसपावीत आसता, गिरायक वा गुंतवणूकदार, जो स्टॉक ब्रोकरा वांगडा संपादन आनी/वा सिक्युरिटीच्या विक्री खातीर आनी/साधित कराराच्या विक्री खातीर ऍक्सचेंजीच्या यंत्रणे वरवीं वेव्हार करता.

**4.2** 'स्टॉक ब्रोकर' म्हणल्यार आनी तातूंत, ब्रोकर वा स्टॉक ब्रोकर समाविश्ट आसता, जाका ऍक्सचेंजींन तशी पदवी दिल्ली आसा आनी जाचे कडेन SEBI कडल्यान नोंदणी प्रमाणपत्र आसता.

## परिशिश्ट - 6

## मार्गदर्शक नोंद – गुंतवणूकदारांखातीर ऍक्सचेंजीच्या वेव्हारा खातीर अशें करचें अशें करचें न्हय

| **वेपाराक सुरवात करच्या आदीं** |
|---|
| 1. तुमी फकत SEBI नोंदणीकृत माध्यमां वरवींच वेव्हार करतले हाची खात्री करून घेवची. तुमी स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या www.exchange.com आनी SEBIच्या www.sebi.gov.in ह्या वॅबसायटी वयल्या सुचयेंतल्यान तांचो SEBI नोंदणी प्रमाणपत्र क्रमांक तपासूं येता. |
| 2. तुमी KYC फॉर्म पुरायेन भरतात आनी KYC फॉर्मातल्यो को-यो सुवाती खोडटात हाची खात्री करून घेवची. |
| 3. तुमी सगळे सक्तीचे दस्तावेज जशे स्टॉक ब्रोकराचीं हक्क आनी जापसालदारकी, जोखीम प्रगटीकरण दस्तावेज, धोरण आनी कार्यपध्दती दस्तावेज वाचल्यात हाची खात्री करून घेवची. |
| 4. तुमच्या आनी तुमच्या स्टॉक ब्रोकराच्या मदीं मान्य जाल्लीं कसलींय स्वतंत्र पोटवाक्यां आसात जाल्यार, तीं वाचपाची, समजून घेवपाची आनी मागीर सायन करतले म्हणपाची खात्री करून घेवची. पोटवाक्यां तुमच्या आनी स्टॉक ब्रोकराच्या मजगतीं मान्य जाल्यांत आनी तुमच्या मान्यताये शिवाय बदलूंक मेळचीं नात हाची नोंद घेवची. |
| 5. सगळ्या दलाली, कमीशनां, फी आनी ब्रोकरान तुमचेर वेपाराखातीर आनी SEBI/स्टॉक ऍक्सचेंजीन स्पश्ट केल्ले समर्पक तडजोड/मार्गदर्शक तत्वां खातीर लायिल्ल्या हेर शुल्कांची स्पश्ट कल्पनां करून घेवची. |
| 6. तुमी अंमलबजावणी केल्लीं सगळीं कागदपत्रां आनी दस्तावेजांची प्रत स्टॉक ब्रोकरा कडल्यान निशुल्क मेळोवची. |
| 7. तुमकां तुमचे बँक आनी डिमट खातें हाताळूंक स्टॉक ब्रोकराच्या फावोरान पॉवर ऑफ ऍटर्नी (POA) दिवची आसल्यार, उपकार करून SEBI/ऍक्सचेंजीन त्या संबंदान जारी केल्लीं मार्गदर्शक तत्वां पळोवंची. |
| **उलाढाली आनी समेट** |
| 8. तुमी लेखी स्वरूपांत विशेश करून अधिकार दिलो जाल्यार स्टॉक ब्रोकर इलॅक्ट्रोनीक नोंदी (ECN) जारी करूंक शकता. ते खातीर तुमी स्टॉक ब्रोकराक तुमचो ईमेल आयडी दिवंक जाय. तुमकां संगणकाचो परिचय ना जाल्यार ECN खातीर वेंचचें न्हय. |
| 9. तुमच्या माजाळयाच्या वेपार खात्याचो पासवर्ड कोणांवांगडा वांटचो न्हय. |
| 10. स्टॉक ब्रोकराक नकद रक्कम केन्नाच फारीक करिनाकात. |
| 11. स्टॉक ब्रोकराच्या फावोरान खात्यांत फारीक करपाक चेक काडचो. स्टॉक ब्रोकराच्या नांवान चेक काडचो न्हय. तारीख, स्क्रीप, प्रमाण, खंयच्या बँक/डिमट खात्यांत तसले पयशे वा सिक्युरिटी दवरल्यात आनी बँक/डिमट खातें खंयचें आसा ह्या म्हायती सयत तुमच्या स्टॉक ब्रोकरा वांगडच्या पगार/सिक्युरिटीच्या ठेवीचो दस्तावेज पुरावो तुमच्या कडेन आसा हाची खात्री करून घेवची. |
| 12. स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या वॅबसायटीचेर वेपार पुनर्तपासणी सुविधा आसा जंय करार नोंदीत उल्लेख केल्ले प्रमाणें वेपाराच्या तपशीलाची तपासणी करूं येता, हाची नोंद घेवची.वॅबसायटी वयल्या वेपार तपशीलात करार नोंदयेंत उल्लेख केल्लो तपशील जुळना जाल्यार, संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या गुंतवणूक कागाळ कक्षाकडेन तत्काळ संपर्क करचो. |
| 13. तुमी चालू खातें हाताळूंक, निधीचे पेआवट सांबाळूंक वा सिक्युरिटीच्या डिलीवरी (जशें आसा ते प्रमाणें) खातीर विशिश्ट अधिकार दिल्लो आसा जाल्यार, ऍक्सचेंजीतल्यान पेआवटची पावती मेळिल्ल्याच्या एका कामकाजाच्या दीसा घडये मेळना. ताका लागून, स्टॉक ब्रोकर मुखावयल्या शर्तींप्रमाणें तुमच्या खातीर चालू खातें सुरू करूंक शकता:<br>a) तुमच्या कडल्या तसल्या अधिकाराचेर तारीख आसूंक जाय, तुमची ताचेर स्वाक्षरी आसूंक जाय आनी तुमी खंयच्याय वेळार रद्द करूंक शकता अशें पोटवाक्य तातूंत आसूंक जाय.<br>b) स्टॉक ब्रोकरान दिनदर्शिकेतल्या पंधरा दिसांनी वा म्हयन्यान, असो किमान एकदां, तुमच्या पसंतीप्रमाणें, निधी आनी सिक्युरिटींचो वास्तविक समेट करूंक जाय.खात्याचो समेट करतना, क्लायंटाच्या निधींच्या लेजरांतल्यान काडिल्लें आनी सगळयो पावत्यो/निधी आनी सिक्युरिटीची डिलीवरी दाखोवपी 'खात्यांचें निवेदन' स्टॉक ब्रोकरान तुमकां धाडूंक जाय. निवेदनात निधींची धारणाशक्ती आनी प्लिज्ड शॅर, खंयचेय आसल्यार तांच्यो सिक्युरिटी आनी तपशील सुध्दां स्पश्ट करता. |

c) समेटाच्या तारखेक, स्टॉक ब्रोकरान उरिल्ल्या बंधनांच्या अनुशंगान गरजेच्यो सिक्युरिटी/निधी हाताळूंक जाय आनी फुडल्या 5 वेपार दिसां खातीर अपेक्षीत आशिल्लो साधीत फायद्याचो निधी सुध्दां दवरूंक जाय. नकद बाजाराच्या उलाढालीत, स्टॉक ब्रोकरान समेटाच्या तारखेक सावन क्लायंटा कडल्यान देय आशिल्लो निधी आनी सिक्युरिटीची पुराय फारीक-करची आशिल्ली रक्कम हाताळूंक जाय, ताणें नकद बाजारांत तशा समेटाच्या दिसा अंमलबजावणी करपाच्या मोलाचो निधी/सिक्युरिटी/फायदो दवरचो पडटलो.

d) तुमी खात्याच्या निवेदनातल्यान वा समेटातल्यान उप्राशिल्लें कसलेंय किजील आसल्यार निधी/सिक्युरिटी वा निवेदनाच्या पावतीच्या तारखे सावन कामकाजाच्या 7 (सात) दिसां भितर स्टॉक ब्रोकराक लिखीत सुचोवणी वरवीं कळोवंक जाय. किजल आसल्यार, लिखीत स्वरूपांत संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या गुंतवणूकदाराच्या कागाळ कक्षाकडेन कळाव करिनास्तना प्रकरण व्हरचें.

14. चालू खातें सांबाळपाक तुमी वेंचील्लें नासल्यार आनी ऍक्सचेंजी कडल्यान फारीकसाणेची पावती मेळिल्ल्या दिसासावन निधी/सिक्युरिटीची फारीकसाण फुडल्या कामकाजाच्या दिसामेरेन जाली ना जाल्यार, उपकार करून स्टॉक ब्रोकराक कळोवचें. किजील आसल्यार संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या गुंतवणूकदाराच्या कागाळ कक्षाकडेन कळाव करिनास्तना लेखी कागाळ करची.

15. उपकार करून वेपार खात्री ऍलर्ट मेळोवंक/SMS वा ईमेली वरवीं वेव्हाराच्या दिसाच्या शेवटाक वेव्हाराचो तपशील मेळोवंक स्टॉक ब्रोकरा फुड्यान तुमचो मोबायल नंबर आनी ईमेल आयडी नोंद करचो.

**वेपाराच्या वांह्गीपदाचें रद्दीकरण (समाप्ती)**

16. जर, स्टॉक ब्रोकर तांचें वांगडीपद परत करतात जाल्यार, ताका वांगडीपदावयल्यान काडलो वा फटिंग म्हूण जाहीर केलो जाल्यार; स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या "वेपाराच्या प्रणालीचेर अंमलबजावणी केल्ल्यो उलाढाली" संबंदान दावे करपाक गुंतवणूकदारांक आमंत्रीत करपाक भौशीक सुचोवणी दितात. संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजी कडेन दिल्ल्या वेळे भितर आनी सगळ्या आदाराच्या दस्तावेजांसयत तुमी दावो करूंक जाय.

17. तुमच्या स्टॉक ब्रोकरा वांगडा तुमी ठेव दवरतात त्या पयशे/वा सिक्युरिटीच्या राखणेकडेन तुमी तुमचो परिचय करून घेवचो, चड करून डिफॉल्टाच्या प्रसंगार वा स्टॉक ब्रोकर दिवाळखोर वा कर्जबाजारी जालो जाल्यार आनी तुमी मेळयतात ते पयशे आनी/वा सिक्युरिटीक जंय वेव्हार जाला त्या संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजी पोट-नियम आनी कायदो लागू जाता.

**किजील/कागाळ**

18. लवादाच्या खटल्याचो तपशील, ब्रोकरा आड पॅनलाची कारवाय आनी गुंतवणूकदाराची स्टॉक ब्रोकरा आडची कागाळ संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीच्या वॅबसायटीचेर प्रदर्शीत करतात हाची उपकार करून नोंद घेवची.

19. संबंदीत स्टॉक ब्रोकर/उप-ब्रोकरा वरवीं तुमचो मुद्दो/समस्या/कागाळीचें निवारण केलें गेलें ना जाल्यार मागीर तुमी संबंदीत स्टॉक ऍक्सचेंजीकडेन तें प्रकरण व्हरूंक शकतात. तुमचें तांच्या निर्णयाचेर समाधान जालें ना जाल्यार तुमी तें प्रकरण SEBI कडेन व्हरूंक शकतात.

20. कागाळ दाखल करच्या खातीर सगळे स्टॉक ब्रोकर/उप-ब्रोकरांक SEBI न कागाळ निवारण विभागाचो/पाळो दिवपी अधिकाऱ्याचो ई-मेल आयडी दिवप सक्तीचें केल्लें आसा.